Panaji प्रादेशिक खबरो 27.08.2026 @ 7.25 AM

महेश गणेश रश्मि

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी पत्रादेवी, पेडणे हांगच्या नुतनीकरण केल्ल्या हुतात्मा स्मृती स्मारकाचे उक्तावण केले.हेवेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, केंद्रीय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. गोयच्या मुक्ती खातीर बलिदान दिवपी हुतात्म्यांक तांणी श्रद्धांजली ओपली. हे स्मारक पोर्तुगीज राजवटी/आडच्या झुजातले धैर्य, देशभक्ती आणि एकतेचे प्रतीक आसा अशे म्हणुन हे वेळार उलयताना राजनाथ सिंह यांनी हे स्मारक उभारल्याबद्दल मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आणि गोय सरकारचे अभिनंदन केले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी हो दिस गोया खातीर एक खास दिस अशे म्हणले. गोयाक पोर्तुगीज राजवटीतत्यान मुक्त करपाच्या प्रयत्नात २,००० परस चड सत्याग्रही पत्रादेवी आयिल्ले. गोंयच्या स्वातंत्र्य संघर्शांत गोंयान केल्ल्या त्यागाची याद जीवी उरतली अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणले

महेश

खेळ आणि शारीरिक तंदुरुस्तीच्या माध्यमात त्यान गोयच्या तरणाट्यांक एकठांय हाडपाच्या उद्देशान, 'माय भारत गोवा राज्य शाखा, 'माय भारत' स्वयंसेवक/टीम, एनएसएस आणि शैक्षणिक संस्थांच्या सहकार्यान २७ ऑगसटाक उत्तर आणि दक्षिण गोयात पाच सुवातानी "खेलो इंडिया संवाद कार्यक्रम - राष्ट्रीय खेळ दिस " आयोजित करतले.. या कार्यक्रमाचो एक भाग म्हणून, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी सकाळी ११:०० क देशभरात व्हडा संख्येन उपस्थित आशिल्या तरणाट्यांकडे आभासी माध्यमा वरवी संवाद साधतले. राज्यातल्या शैक्षणिक संस्थांनी हो कार्यक्रम आयोजित करतले. ह्या खातीर य निश्चित केल्यो पाच सुवाती म्हणजे सेंट झेवियर्स कॉलेज (म्हापसा);

गव्हर्नमेंट कॉलेज ऑफ आर्ट्स, सायन्स अँड कॉमर्स (सांखळी); श्री गोपाल गावकर मेमोरियल गोवा मल्टी-फॅकल्टी कॉलेज (धारबांदोडा); रोझरी कॉलेज ऑफ आर्ट्स अँड कॉमर्स (नावेलिम) आणि विद्या प्रबोधिनी कॉलेज (पर्वरी). मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सकाळी १०:३० क सांखळीत गव्हर्नमेंट कॉलेज ऑफ आर्ट्स, सायन्स अँड कॉमर्सतलया कार्यक्रमास उपस्थित रावतले.

RASHMI

गोंय अर्थिक उदरगत म्हामंडळाची ४०९व्या मंडळाची बसका मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायखाला जाली . ह्या सभेंत टर्म लोन मंजूर करपाबरोबरच कितलेशे महत्वाचे धोरणात्मक आनी आर्थिक निर्णयांक मान्यता दिंली. अर्थिक वर्स 2025-26 ह्या काळांत ईडीसीन सुमार १२८ कोटी रुपयांचें महसूल आनी अंदमाशीत एकोणसत्तर  कोटी रुपयांचो नफो नोंद केला.

मुखेलमंत्री सावंत हांणी सुधारिल्या मुख्यमंत्री सुधारित व्याज सवलत येवजणेचोय नियाळ हेवेळार घेतलो. तशेंच, मुख्यमंत्री रोजगार येवजणेवरवी लुकसाणान गेल्ल्या व्यवसायिकांक खातीर इझी एक्झिट येवजण इडीसी लागू करतली. ह्या येवजणेखाला पात्र लावार्थ्यांक दोन वर्सां भितर मूळ रक्कम फारीक केल्यार व्याज माफ करपाची तरतूद आसा.ह्या योजनांवरवी गोयात उद्योजकता वाडोवपाक आनी स्वयंपूर्ण गोवा संकल्पना अधिक बळकट करपाक मदत जातली, अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

RASHMI

गोंय दीव्यांग सशक्तीकरण खात्यावतीन राज्यात जावपी जात्रा, भौशीक सुवातींनी आनी वेगवगळ्या वाठारातल्या मार्केटानी दीव्यांग आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर स्टॉल राखून दवरतले अशी म्हायती ह्या खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.ह्या व्यक्तींक रोजगार दीतना ल्हान उद्देजकांक तांच्या वेवसायात आदार मेळटलो आनी तांकां तांचीं उत्पादनां विकपाक मजत जातली.

Dip

समाज कल्याण संचालनालयान ज्येश्ठ नागरिक सन्मान येवजणेखातीर अर्ज करपाची मुजत तारीख 16 सप्टेंबर 2026 सांजेची 3.00 वरा मेरेन वाडयल्या. संचालनालयावतीन ता. 1 ऑक्टोबराक संवसारीक ज्येश्ठ नागरिक दिसा राज्य पांवड्यावयल्या कार्यक्रमात 70 वर्सां पिराये वयल्या राज्यांतल्या 14 नामनेच्या ज्येश्ठ नागरिकांचो सत्कार करतले. अर्ज समाज कल्याण संचालनालय, पणजी आनी दक्षीण गोंय जिल्हा कल्याण कचेरी, मडगांव हांगा उपलब्ध आसा.

IMA

इंडियन मेडिकल असोसिएशन (IMA)न इन्फ्लूएंझा ए (H1N1) च्या वाढत्या प्रसाराच्या फांटभुंयेर लोकांक सतर्क रावपाचे आवाहन केला . चडशे संसर्ग सौम्य आणि आपोआप बरे जावपी असून भिवपाचे कारण ना, अशेय असोसिएशनान म्हणाला.

स्पोर्ट्स

म्हाड्डोळच्या युनायटेड स्पोर्टस क्लबान घडोवन हाडिल्ल्या 19 व्या फुटबोल सर्तींत मार्शेलाच्या धाडसाखळ स्टार्स पंगडान बेतकेच्या एस ब्रदर्स पंगडाचेर एका गोलान जैत मेळयत सर्तिचें वस्तादपण जोडलें.

वेदर

गोंय वेधशाळेन नोंद केलां ते प्रमाण फाटल्या 24वरांत राज्यांत हलको आनी मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची नोंद जाल्या. राज्यात हलको वा मध्यम स्वरूपाचो पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.